**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक ओणम सणाची परबीं**

ता. 28 ऑगस्ट 2023

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून केरळ आनी संवसारभरांतल्या हेर केरळीयन समाज बांधवांक ओणम सणाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ओणम सणाच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी खास करून केरळ आनी संवसारभरांतल्या हेर केरळीयन समाज बांधवांक मनाकाळजा सावन उर्बेभरीत परबीं भेटयता.

ओणम हो केरळचो खुप म्हत्वाचो आनी पारंपरीक उत्सव आसा आनी केरळचे लोक हो उत्सव जात, पात आनी समाज भेदभाव करीनासतना व्हडा उमेदीन आनी दबाजान मनयतात. लोककथेप्रमाण राजा महाबलीक केरळ राज्यांत येवकार दिवपा खातीर ओणम सण मनयतात, जांणी खुप काळा पयली केरळात राज्य केले आनी लोकांच्या कल्याणा खातीर राज्यकारभार चलयलो. ओणम हो 10 दिसांचो सण आनी ह्या सणाच्या प्रत्येक दिसाक खास म्हत्व आसा आनी तो खास तरेन मनयतात. ह्या सणाचे आनीक एक खाशेलपण म्हणल्यार ह्या सणाच्या दिसांनी अनेक तरेचे शाकाहारी पदार्थ रांदतात आनी केळीच्या पानाचेर वाडून जेवतात.

ह्या पारंपरीक उत्सवातल्यान समाजाच्या विंगड विंगड घटकांमदीं सामाजीक सलोखो, बरेपण आनी इश्टागत वाडटा. ओणम हो आदलो समृध्द आनी बरेपणाचो काळ अणभवपाचो उत्सव आसा.

ओणम सणाचो हो शुभ प्रसंग गोंयच्या लोकांच्या जीणेत खुशालकाय, शांतीकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/670

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.